Date : 15/05/2026 राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

प्रधानमंत्री

संयुक्त अरब अमीरात, युएई आनी युरोपांतल्या स दिसांच्या भोंवडेच्या पयल्या लेगा खातीर आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी अबू धाबीक पावले. तांकां विमानतळार युएईचो अध्यक्ष शेख मोहम्मद बिन जायद अल नहयान हांणी येवकार दिलो. उपरांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी युएईच्या अध्यक्ष वांगडा उर्जा सहकार आनी द्विपक्षीय वेपारा विशी भासाभास केली. प्रधानमंत्री मोदी हांणी आपल्या उलोवपांत हालींच युएईचेर जाल्ल्या हल्ल्याचो खर निशेध केलो आनी ह्या कठीण काळांत युएई फुडाऱ्यांनी दाखयल्ल्या धैराची तोखणाय केली. तशेच दोनूय वटांनी रणनिती संरक्षण भागीदारी खातीर जायत्यो समजीकायेच्य कबलातीचेर सयो केल्यो . \भारत आनी युएई हांचे मदली व्यापक रणनिती भागीदारी जायत्या मळार घटमूट जायत आसा अशेंय प्रधानमंत्रांनी नदरेक हाडले

संसदीय वेव्हार मंत्री

अस्तंत आशियांतल्या संघर्शा उपरांत संवसारभर इंधनाच्या दरांत चड वाड जायात आसून लेगीत देशांतल्या भौशीक क्षेत्रांतल्या तेल कंपनींनी लुकसाण सोंसून लोकांक म्हारगाय आनी अर्थीक संकश्टासून वाटायल्यात अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें .

संरक्षण मंत्री

केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज आंध्र प्रदेशांतल्या पुट्टापार्थींत प्रगत मध्यम झुजारी विमान (एएमसीए) कार्यावळीच्या सुविधेचो बुन्यादि फातर बसयलो. नव्यान सुरू केल्ल्या संरक्षण प्रकल्पांक लागून राश्ट्रीय सुरक्षा घटमूट जातली, उद्देगीक उदरगतीक गती मेळटली आनी तरणाट्यांक व्हड प्रमाणांत रोजगाराची संद मेळटली अशें तांणी सांगलें.

शिक्षण मंत्री

विद्यारर्थी हे सरकाराचें प्राधान्य आसा आनी तांच्या समस्यां कडेन सरकार संवेदनशील आसा अशें शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी सांगलें. आयज नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना ताणी सांगलें राष्ट्रीय चांचणी संस्थेने वैजकीय प्रवेश परिक्षा नीट-यूजी 2026 21 जून दिसा परतून घेवपाची घोशणा केल्या

एनटीएंत व्हड प्रमाणांत सुदारणा करपाची गरज आसा फुडाराक कसलीच अनियमितताय येवची न्हय म्हणून परिक्षा वेवस्था घटमूट करपा खातीर पावलां उबारतले अशें तांणी सांगलें.

विदेश मंत्री

सुदारीत आनी प्रभावी बहूपक्षीय वेवस्थेच्या ध्येयाखातीर भारत सगल्या भागीदारांक घेवन वावुरपाक बंदील आसा अशें विदेश मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी म्हणला . आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या ब्रिक्स विदेश  मंत्र्यांचे बसकेच्या दुसऱ्या दिसा सत्रात ते उलयताले. आंतरराश्ट्रीय वित्तीय रचनेत बेगोबेग सुधारणा करपाची गरजेचेर ताणी भर दिलो.

'खणसुरक्षा महासंचालनालया'च्या मार्गदर्शनाखाला ,

 बेचाळीसाव्या  'खण सुरक्षा सप्तकाचो समारोप सुवळो आज गोयात जालो  या कार्यावलीचे आयोजन  'खण सुरक्षा आणि उत्पादकता परिषदे'न केल्ले तर 'फोमेंटो रिसोर्सेस प्रायव्हेट लिमिटेड'न ह्यांचे  यजमानकी चलयली .

खण सुरक्षा महासंचालनालयाचे उपमहासंचालक  रामावतार मीना या कार्यावलीचे मुखेल सोयरे महून हाजिर आशीलले. त्यांनी खण क्षेत्रात सुरक्षा मानक चड  घटमुत करपाच्या 'शून्य-हानी' ह्या संकल्पनेक  चालना दिवपाच्या  महत्त्वाचेर भर दिलो

एक कलोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा.

.हवामान

भारतीय हवामान खात्यान नैऋत्य मौसमी पावस  26 मे मेरेन केरळांत पावपाची शक्यताय उक्तायला .  खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या 24 वरांत दक्षिण बंगालचो उपसागर, अंदमान दर्या आनी अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर नैऋत्य मौसमी पावसाखातीर अनुकूल परिस्थिती आसा.

खेळ

सत्विकसैराज रँकिरेड्डी आनी चिराग शेट्टी ह्या भारतीय  जोडी बँकॉकांत जाल्ल्या थायलंड ओपन बॅडमिंटन सर्तीच्या उपांत्य फेरयेंत पावलं घाला.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आयज सांजे7:30 वरांचेर
लखनौंत लखनौ सुपर जायंटस आनी चेन्नई सुपर किंग्स पंग्दमदि खेळ जातलो

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे फुडले तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर
--